# लोकोत्सव - 2019

## हस्तकला आनी खावपा जीन्नस स्टॉलाखातीर 10 डिसेंबराच्यान अर्ज उपलब्ध

ता. 7 डिसेंबर 2018
16 मार्गशीर्ष 1940

गोंय सरकारचे कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद, उदयपूर हांच्या जोड पालवान आनी हेर सरकारी संस्थांच्या सहकार्यान राष्ट्रीय लोककला महोत्सव ''लोकोत्सव 2019'' चे आयोजन ता. 11 ते 20 जानेवारी 2019 मजगती दर्यासंगम, कला अकादमी प्रकल्प, कांपाल-पणजी हांगा करपात येतले. हया लोकोत्सवात गोंयासयत देशाच्या वेगवेगळया राज्यातल्यान 500 लोककलाकांर वाटो घेतले. तशेंच सुमार 500 ते 600 हस्तकारांगिर आनी पारंपारिक खाणां जीन्नस विकपी हया धा दिसाच्या महोत्सवात सहभागी जातले. हस्तकला, हातमागाचे कपडे, पारंपारिक दागिने आनी हेर वस्तूंची स्टॉलां महोत्सवात मांडटले.

त्याखातीर गोंयच्या मान्यता प्राप्त हस्तकला कारागिर, पारंपारिक दागिने, हातमाग कपडे, खावपा जीन्नस विक्रेते आनी आप मजत गटांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

पारंपारिक हस्तकला आनी खाणां जीन्नस स्टॉल नोंदणीखातीर प्रत्येकी रू.2000/- शुल्क आसतले जाल्यार गोंयचे खाणां जीन्नस विकपाच्या स्टॉला खातीर प्रत्येक दिसा रू. 500/- कोयर शुल्क म्हुण धा दिसा खातीर रू. 5000/- आकारपात येतले. गोंयाभायल्या खाणां जीन्नस स्टॉलाखातीर प्रत्येक दिसा रू. 1000/- कोयर शुल्क म्हुण धा दिसाखातीर रू. 10,000/- शुल्क आकारपात येतले.

अर्ज पयली येवप्याक पयली हया तत्वाचेर ता. 10 ते 14 डिसेंबर 2018 मेरेन कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 20 डिसेंबर 2018 मेरेन सुपूर्द करपाक जाय. उसरा आयिल्ल्या अर्जाचो विचार जावचो ना. गोंयाभायल्या हस्तकला कारागिर आनी खाणां जिन्नस विक्रेत्यांनी केल्ल्या अर्जाचो विचार जावचो ना.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1790